नमस्कार आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या

Date : 03/12/2025

राष्ट्रीय खबरो

6.30 PM

राष्ट्रपती

दिव्यांग लोकांक समान वागणूक दिल्यारच समाजाची खऱ्या अर्थान उदरगत जावंक शकता अशें राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी म्हणलां. नवी दिल्लींत दिव्यांग व्यक्तींच्या सशक्तीकरणा खातीर राष्ट्रीय पुरस्कार भेटवण सुवाल्यात त्यो उलयताल्यो . ह्या वेळार ताणी दिव्यांग व्यक्तींक सशक्तकरपाच्या अनुकरणीय यत्नांखातीर व्यक्तीं आनी संस्थांक राष्ट्रीय पुरस्कार

मजगती प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आंतरराष्ट्रीय दिव्यांग दिसा निमतान दिव्यांगांक स्वाभिमान, सुलभताय आनी समान संदी सुनिश्चीत करपाच्या सरकाराच्या संकल्प पुष्टी केली . दिव्यांग व्यक्तींनी आपल्या सृजनशीलतायेन आनी निर्धारान विंगड विंगड क्षेत्रांनी उत्कृश्ट कामगिरी केल्याअशे ताणी सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत म्हला

विदेश वेव्हर मंत्री

सरकारान फाटल्या तीन वर्सांत MADAD पोर्टलावरवीं सुमार 1लाक 38हजार कागाळी सोडयल्यात अशें विदेश वेव्हर मंत्री डॉ. डॉ. एस. जयशंकर हाणी सांगला . आयज नवी दिल्लींत जाल्ले भारतिय संवसारीक वर्सुकी परिशदेंत ते उलयतले

.वेगवेगळ्या देशांतल्या बेकायदेशीर स्थलांतरा आड राजकी आनी समाजीक प्रतिक्रियेचेर ताणी भाष्य केले

शिक्षण मंत्री

नवे राष्ट्रीय शिक्षण धोरण आवयभाशेचेर आदारिल्ल्या शिक्षणाक भर दिता अशें केंद्रीय शिक्षण मंत्री धर्मेंद्र प्रधान हांणी सांगलां. समग्र शिक्षा अभियान, एनईपी आणि पीएम श्री हांचो परस्पर संबंद आसा. तशेच समग्रा शिक्षा अभियानूय राष्ट्रीय शिक्षण धोरणाच्या शिफारशींशी सुसंगत आसा अशें तांणी राज्यसभेंत पूरक प्रस्नांक जाप दितना सांगलें. सरकार देशातल्या 50 हजार शाळांनी नवे अटल टिंकरिंग लॅब स्थापन करतलें. शाळा

पांवड्यार संशोधन आनी नवनिर्माणाक चालना दिवपा खातीर अटल इनोव्हेशन मोहिमेखाला 10 हजारां परस चड अटल टिंकरिंग लॅब स्थापन केल्यात अशी म्हायती ताणी  दिली.

मंत्री अश्विनी वैष्णव

फटीच्यो  खबरो लोकशायेखातीर धोक्याच्यो आसात  अशें म्हायती आनी प्रसारण मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी म्हणला. आयज लोकसभेंत प्रस्नवराक पूरक प्रस्नांक जाप दितना ताणी सांगले कि

वितरणमंत्री प्रल्हाद जोशी
देशातली सुमार शंबर टक्के रेशन कार्ड आतां डिजिटल जाल्यात अशी म्हयति केंद्रीय अन्न, भौशीक वितरणमंत्री प्रल्हाद जोशी हांणी दिली . 20.पूज्य 58 कोटी घरगुती रेशन कार्डांतली चडशे सगळी डिजिटल जाल्यात. प्रधानमंत्री गरीब कल्याण अण्णा येवजणे खाला सरकार लावार्थ्यांक फुकट रेशन दिता आनी तें 2029 मेरेन चालू उरतले अशें तांणी सांगलें,

सरकारान संचार साथी ॲपाची वाडती स्वीकृताय मतींत घेवन मोबायल फोन निर्मात्यांनी हो ॲप प्री-इन्स्टॉल करप सक्तीचें ना अशें थारायलां. नागरिकांक खंयच्याय वेळार हो ॲप अनइन्स्टॉल करपाक मेळटा अशें सरकारान स्पश्ट केलां. हो ॲप सुरक्षीत आसा आनी ताचो हेत  लोकांची  सायबर गुन्यांवांतल्यान राखण काराप हो आसा  अशें मंत्रालयान सांगलां.
मजगती
केंद्रीय संचारण मंत्री ज्योतिरादित्य सिंधिया हांणी आयज विरोधकांनी केल्ले हेरगिरीचे आरोप न्हयकारले आनी संचार साथी ॲपा वरवीं हेरगिरी करप शक्य ना अशें सांगलें.

हवामान ४०
व्हड पावसाक लागून आशिया खंडांत खर हुंवार येवपाची शिटकावणी संवसारीक हवामान संघटनेन दिल्या.काल जिनीव्हांत संयुक्त राष्ट्र संघटनेचे पत्रकार परिशदेंत डब्ल्यूएमओन सांगलें की, मौसमी पावस आनी उश्ण कटिबंधीय चक्रीवादळाक लागून दक्षिण आनी आग्नेय आशियांतल्या जायत्या वाठारांनी विध्वंसक हुंवाराक लागून  शेंकड्यांनी लोकांक मरण आयलां, आनी व्हड अर्थीक लुकसाण जालां.
मजगती भारतीय हवामान खात्यान तामिळनाडू, पुद्दुचेरी, कराईकल आणि तेलंगणात चड पावस पडपाची शक्यताय उक्तायल्या. फुडल्या दोन दिसांत पंजाब, मध्य महाराष्ट्र आनी

मराठवाड्यांत शियांच्या  ल्हारचो अदमास आसा . तशेच आसाम, मेघालय, हिमाचल प्रदेश, नागालँड, मणिपूर, मिझोराम, त्रिपुरा आनी ओडिशात दाट धुकें पडपाचो अदमास उक्तायला

स्पोर्ट्स 25

रायपूरात शहीद वीर नारायण सिंग आंतरराष्ट्रीय मैदानार चालु आशिल्या एका दिसाच्या क्रिकेट खेळात दक्षिण आफ्रिके कुरु बव्लो जिखून गोलंदाजी करपाचो निर्णय घेतलानिमाणी खबर मेल्ली तेंना

दक्षिण आफ्रिके 7 षटकांत1गडे व्हाग्डावून -34 धावन्द्यो केल्यात

इतल्यान ह्या राष्ट्रीय खबरो सोपल्या. आमचे मुखावेले राष्ट्रीय खबरापत्र तुमका आयकुक मेळटले फाल्या सकाळी आठ जावण चाळीस मिंनटाचेर  -